**67व्या शालेय खेळां फॅडरेशनच्या राष्ट्रीय खेळां सर्तींखातीर स्क्वॅश पंगड निवड चाचणी**

30 डिसेंबर 2023

पुणे हांगा जावपी 67 व्या शालेय खेळां फॅडरेशनच्या स्क्वॅश राष्ट्रीय सर्तींत गोंय राज्याचे प्रतिनिधित्व करपा खातीर अ- 14, 17 आनी 19 चले आनी चलयों खेळगड्यांच्या पंगडांची निवड करपाक खेळां आनी युवा वेव्हार संचालनालयान 2 जानेवारी 2024 दिसा सकाळी 9.30 वरां सावन चिकली खेळा प्रकल्पात निवड चाचणी आयोजीत केल्या.

अ-14 (चले आनी चलयो) पंगडा खातीर खेळगड्याचो जल्म 1 जानेवारी 2010 दिसा वा त्या उपरांत जाल्लो आसपाक जाय. अ-17 (चले आनी चलयो) पंगडा खातीर खेळगड्याचो जल्म 1 जानेवारी 2007 दिसा वा त्या उपरांत जाल्लो आसपाक जाय. अ-19 (चले आनी चलयो) पंगडा खातीर खेळगड्याचो जल्म 1 जानेवारी 2005 दिसा वा त्या उपरांत जाल्लो आसपाक जाय.

निवड चाचणीक हजर रावपी खेळगडो शाळा/ज्युनियर कॉलेजीचो नियमित विद्यार्थी आसपाक जाय. खेळगड्यांनी निवड चाचणी खातीर वयल्या तारखेच्या दिसा आनी थळार सकाळी 9.00 वरांचेर प्रभारी अधिकाऱ्याकडेन आपले शाळेचे वळखपत्र/स्पोर्ट्स कार्ड आनी 3 पासपोर्ट आकाराच्या फोटो सयत संपर्क करचो.

ह्या निवड चाचणी खातीर इत्सुक खेळगड्यांनी कोच श्री. रेहमान हुबळी (Mob.No.- 9890547289 / 9422388688), श्रीमती स्नेहा भंडारी आनी श्री मंगेश लाड , मो. नं. 7972151285/9403177036 हांचे कडेन संपर्क करचो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/972

Issued by the Department of Information & Publicity
Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.